राष्ट्रीय खबरो राजश्री कामत 02.06.2025 @ 8.40 am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका राष्ट्रीय खबरो दीता.

मुखेल खबरो

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत भारत मंडपमात जावपी आंतरराष्ट्रीय हवाय येरादारी संघटनेच्या ८१ व्या वर्सुकी सर्वसाधारण सभेत वाटेकार जातले

गृहमंत्री अमित शहा हाणी हुंवारग्रस्त ईशान्येकडच्या राज्यांक केंद्राकडच्यान पूराय मदतीचे आश्वासन दिला

पॅराग्वेचे अध्यक्ष सँटियागो पेना पॅलासिओस आजसावन तीन दिसांच्या भारत दौऱ्यार येतात

नॉर्वे बुध्दिबळ 2025 सर्तीच्या सव्या फेरयेंत सध्याचो संवसारीक विजेतो डी.गुकेश हाणें संवसारीक क्रमांक एक मॅग्नस कार्लसन हाका हारयलो

मोदी 100

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत भारत मंडपमात जावपी आंतरराष्ट्रीय हवाय येरादारी संघटनेच्या ८१ व्या वर्सुकी सर्वसाधारण सभेत वाटेकार जातले. आजपासून सुरू जाल्या IATA कार्यवळ या महिन्याच्या ३ तारखेक सोपतली . जागतिक हवाय येरादारी शिखर परिषदेत विमान येरादारी उद्योगा मुखार आशिल्या प्रमुख मुद्द्यांर लक्ष केंद्रित करतले जातुन, विमान उद्योगाचे अर्थशास्त्र, हवाय कनेक्टिव्हिटी, ऊर्जा सुरक्षा, शाश्वत विमान इंधन उत्पादन, कार्बोनायझेशनाखातीर वित्तपुरवण आणि नवोपक्रम हांचो आसपाव आसा.. प्रधान मंत्री कार्यालयान एका निवेदनात म्हणला की, या कार्यक्रमा वेळार, जगभरातले फुडारी भारताच्या विमान येरादारी क्षेत्रात उल्लेखनीय परिवर्तन आणि देशाच्या सामाजिक-आर्थिक विकासात तांचे योगदान पळयतले. IATA ची निमणी वर्सुकी सर्वसाधारण सभा ४२ वर्सां आदी १९८३ त जाल्ली

चौहान 45

शेती ही देशाचे अर्थवेवस्थेची सगळ्यांत व्हडली ताकद अशें शेतकी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत पंडित दीनदयाल उपाध्याय हांच्या अविभाज्य मानवतावाद व्याख्यानांच्या 60व्या वर्साच्या निमतान राष्ट्रीय स्मारक चर्चासत्रात उलयताना गांवगिऱ्या वाठारांतल्या गरिबींत उत्साहवर्धक घट आनी देशांतल्या लोकांच्या जिणेच्या दर्ज्यांत आयिल्ल्या सकारात्मक बदलांचेर चौहान हाणी उजवाड घालो.

GST 65

भारतांत मे म्हयन्यांत सलग दुसरया  म्हयन्या खातीर माल आनी सेवा कर वा जीएसटी वसुलीचो वट्ट 2 लाख कोटी रुपयांचो आंकडो हुंपलो. केंद्रीय अर्थ मंत्रालयान जाहीर केल्ल्या आंकडेवारी प्रमाण मे म्हयन्यांत जीएसटी वसुली वट्ट 2.01 लाख कोटी रुपया जाल्या, जी मे 2024 वर्सा एकठांय केल्ल्या 1.72 लाख कोटी रुपया परस 16.4 टक्क्यांनी चड आसा.एप्रिल 2025 वर्सा भारतांतल्या जीएसटी वसुलींत 12.6 टक्क्यांनी वाड जावन 2.37 लाख कोटी रुपयाचो विक्रमी उंचाक गाठीलो

सिक्किम 30

सिक्किम सरकार पांच वर्सांच्या विरामा उपरांत भगवान शिवाच्या निवासस्थानाची पवित्र तीर्थयात्रा ही कैलाश मानसरोवर यात्रा आयोजित करपाक सज्ज आसा. ह्या

म्हयन्याच्या 15 तारखेक पयल्या गटाचे यात्रेकरु गँगटोकांत पावतकच ही यात्रा सुरू जातली.

शहा 70

गृहमंत्री अमित शहा हाणी हुंवारग्रस्त ईशान्येकडच्या राज्यांच्या मुख्यमंत्र्यांकडे संवाद साधलो आनी केंद्राकडच्यान पूराय मदतीचे आश्वासन दिले  आसाम, मणिपूर, सिक्कीम आणि अरुणाचल प्रदेश या चार ईशान्येकडच्या राज्यांच्या मुख्यमंत्र्यांकडे ताणी संपर्क साधला. घोग्याच्या पावसान जाल्या भीरांकुळ हुंवारआणि भूस्खलनाचो फुडो करत असताना या प्रदेशाक पूराय मदत दितले अशे शाह हाणी आज राज्य फुडाऱ्यांकडे वैयक्तिकरित्या चर्चा करताना हे उतर दिले. आसामचे मुख्यमंत्री हिमंता बिस्वा शर्मा हांणी तांचो हुस्को आणि बेगोबेग मदतीच्या उतरा खातीर त्यांचे उपकार मानले.

पेना 130

पॅराग्वेचे अध्यक्ष सँटियागो पेना पॅलासिओस आजसावन तीन दिसांच्या भारत दौऱ्यार येतात. तांचे वांगडा मंत्री, वरिष्ठ अधिकारी आणि व्यावसायिक प्रतिनिधींसयत एक उच्चस्तरीय शिष्टमंडळ आसतले. या भेटी वेळार, दोनुय वटांनी द्विपक्षीय संबंधांचो व्यापक नियाळ घेवपाची अपेक्षा आसा. परराष्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, राष्ट्रपती पेना हांचो हो  पयलो भारत दौरा  आणि पॅराग्वेचे राष्ट्राध्यक्ष म्हण हो दुसरो . त्यांच्या भेटीच्या पयल्या दिसा, अध्यक्ष पेना

प्रधान मंत्री .नरेंद्र मोदीकडे चर्चा करतले जातुन दोनुय फुडारी द्विपक्षीय संबंधांच्या पुराय क्षेत्राचो नियाळ घेतले. ते राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती जगदीप धनकर आणि परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांकाय मेळटले बुधवारा पॅराग्वेक परतुपा आदी राष्ट्रपती पेना मुंबयकुच भेट दितले. भारत आणि पॅराग्वेन १९६१ त राजनैतिक संबंध प्रस्थापित केले, जाका लागुन दोनय राष्ट्रांमदी फाटल्या काय दशकांपासून  बरे आणि मैत्रीपूर्ण संबंध निर्माण जाल्यात. दो नय देशांनी व्यापार, शेती,भलायकी,वखदां निर्माण आणि माहिती तंत्रज्ञान यासयत वेगवेगळ्या क्षेत्रात सहकार्य विकसित केला.

झा 100

ऑपरेशन सिंदूर अंतर्गत भारताच्या सततच्या प्रयत्नांचो एक भाग म्हणून आणि दहशतवादाविरुद्धच्या भारताच्या तत्वनिष्ठ आणि दृढ भूमिकेच्या अनुषंगान, संसद सदस्यांचो आसपाव आशिल्ले सात सर्वपक्षीय शिष्टमंडळ त्यांच्या संपर्क कार्यक्रमासयत वेगवेगळ्या देशांत आसात. हे शिष्टमंडळ भारताच्या सगळ्या प्रकारच्या दहशतवादाक शून्य सहिष्णुतेचो मजबूत संदेश दितात. JDU चे खासदार संजय कुमार झा यांच्या फुडारपणाखाला सर्वपक्षीय शिष्टमंडळान क्वालालंपूरात तोराना गेट हांगा भेट दिली. शिष्टमंडळान मलेशिया-इंडिया हेरिटेज सोसायटी चे सदस्य, आघाडीच्या मलेशियन मीडिया हाऊसचे प्रतिनिधी आणि सोशल मीडिया प्रभावकांकडेय संवाद साधलो. शिष्टमंडळान तांका त्यांच्या भेटीचो हेत, मलेशियन संवादकांकडे जाल्यो तांच्यो बसका आणि दहशतवादाविरुद्ध शून्य सहिष्णुतेची भारताची दृढ वचनबद्धता हाचेबद्दल माहिती दिली.  माध्यमांकडे उलयताना झा हाणी म्हणाले की मलेशियाच्या राष्ट्रपतींनी पहलगाम दहशतवादी हल्ल्याचो तीव्र निषेध केला.

नड्डा 135

केंद्रीय भलायकी मंत्री आणि भाजपचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जे.पी. नड्डा हाणी भारताची स्वतःची विचारसरणी निर्माण करपाचेर आणि भारतीय विचारसरणीक महत्त्व दिवन ती मुखार व्हरपाचेर  भर दिला. पंडित दीनदयाळ उपाध्याय यांच्या अविभाज्य मानवतावाद व्याख्यानांच्या ६० व्या वर्षाच्या राष्ट्रीय स्मारक चर्चासत्रात उलयताना ताणी म्हणले की, पंडित दीनदयाळ उपाध्याय यांचे स्वप्न आशिल्ले की भारताचे स्वतःचे मानक आसचे, कारण आदी देशाचेर पाश्चात्य प्रभाव आशिल्लो. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला, देश स्वदेशी उत्पादनाचेर लक्ष केंद्रित करून जगातली चौथी सगळ्यात व्हड अर्थव्यवस्था जाला. ताणी म्हणले की, एक द सकाआदी भारत ९२ टक्के मोबाईल फोन आयात करतालो पुण, आता देश ९७ टक्के मोबाईल फोन करता आणि त्यांची निर्यातय करता.२५ टक्के लोक गरीबी रेषेखाला आहेत. पीएम-आवास, स्वच्छता अभियान आणि किसान सन्मान निधी यासारख्या सरकारी उपक्रमांचो उल्लेख करताना  नड्डा हाणी म्हणले की, सरकार फक्त बायला, शेतकार आणि समाजातल्या उपेक्षित घटकां कच सक्षम करना तर त्यांका मुख्य प्रवाहात हाडटा

चंडीगढ 80

ऑपरेशन सिंदूरच्या नायकांचो आनी पहलगामांतल्या निंदनीय  आतंकवादी हल्ल्यांत बळी पडील्या  निरपराधी जिवांचो उगडास करपाक चंडीगढत एके

कार्यावलीत काल सांजवेळार ‘सिंदूर का संदेश - ना भुलाएंगे, ना माफ करेलेंगे’ ह्या नांवान श्रद्धांजली ओपली, तातूंत नागरिक, हुतात्माचे कुटुंब आनी हेरांक राश्ट्रीय एकचाराचें प्रतीक म्हणून एकठांय हाडले. पंजाबाचे राज्यपाल आनी केंद्रशासित प्रदेश चंदीगडचे प्रशासक गुलाब चंद कटारिया हाणी श्रद्धांजली ओपतना 22 एप्रीलाक जाल्ल्या हल्ल्यांतल्या धाडसी सैनिकांक आनी 28 निरपराधी बळींक म्हणलें की ‘ऑपरेशन सिंदूर’ हो आमच्या देशाचो एक दृढ प्रतिसाद. तो बदलो न्हय - तो न्याय आशिल्लो.

सर्ती 110

78व्या स्वातंत्र्य दिसा निमतान तरणाट्यां खातीर सरकार वेगवेगल्या सर्तींचें आयोजन करता. पयली सर्त ही ‘ऑपरेशन सिंदूर - आतंकवाद आड भारताचें धोरण नवी व्याख्या करप’ ह्या विशयाचेर द्विभाशीक निबंद सर्त आसा. सर्तींतल्या पयल्या तीन विजेत्यांक दरेकीं 10 हजार रुपया रोख इनाम आनी नवी दिल्लीच्या लाल किल्ल्यांचेर जावपी 78व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या उत्सवांत वांटो घेवपाची खाशेली संद मेळटली. दुसरे सर्तींत सरकारान सगळ्या नवोदित सोशल मिडिया प्रभावकांक भारतीय स्वातंत्र्याच्या खंयच्याय स्मारकाचेर आनी थळांचेर तांच्या भोंवडेचे व्हिडियो आनी रील तयार करपाक आमंत्रित केल्यात. मजगतीं, ‘नवो भारत, बळिश्ट भारत’ ह्या विशयाचेर चित्रकला सर्तूय आयोजीत केल्या, जंय भाग घेवप्यांक रंगांच्या आदारान देशाची प्रगती आनी कामगिरी दाखोवपाची संद मेळटा. भाग घेवप्यांनी मायगॉव संकेतथळाक भेट दिवची. सर्त ह्या म्हयन्याचे 30 तारखे मेरेन उक्ती आसा.

स्पोर्ट्स 100

काल रातीं स्टॅव्हॅन्जर सिटींत जाल्ल्या नॉर्वे बुध्दिबळ 2025 सर्तीच्या सव्या फेरयेंत सध्याचो संवसारीक विजेतो डी.गुकेश हाणें संवसारीक क्रमांक एक मॅग्नस कार्लसन हाका हारयलो. कार्लसनाचेर गुकेशाचो हे पयले क्लासिकल जैत. कार्लसनान चडसो

खेळ नियंत्रण दवरला अशें दिसतालें, पूण स्टॅव्हॅन्जरांतल्या अदमास नाशिल्या हवामान प्रमाण सगळेंच खिणाक बदललें. भारतीय खेळगड्यांन दबावा खालाय पकड घट्ट दवरून निमाण्या खेळांत 34 वर्सां पिरायेच्या नॉर्वेजियन ग्रँडमास्टरच्या एका दुर्मिळ चूकीचो फायदो घेत संस्मरणीय जैतात रूपांतर केले

-----------

65

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जाल्ले क्वालिफायर 2 मॅचींत पंजाब किंग्सान मुंबय इंडियन्साक 5 विकेटींनी हारोवन अंतिम फेरयेत प्रवेश केलो. मुंबय इंडियन्सान थारायिल्ल्या 204 धांवड्यांचे लक्ष्य गाठताना पंजाब किंग्सान 207 धांवड्यो करून एक षटक बाकी आसताना पाच बाद २०७ धांवड्यो केलयो पंजाब किंग्स खातीर कर्णधार श्रेयस अय्यरान नाबाद 87 सर्वाधिक धांवड्यो  केलयो. हाचे आदीं मुंबय इंडियन्सान निर्धारित २० षटकांत ६ बाद २०३ धावा धांवड्यो केल्यो.

85

26व्या आशियाई एथलेटिक्स चॅम्पियनशिपांत दक्षिण कोरियाच्या गुमी शारांत भारतीय खेळगड्यांनी दमदार  कामगिरी करून एकंदर पदकांच्या क्रमवारीत चीन फाटल्यान दुसरो क्रमांक मेळयलो. 8 भांगरा, 10 रुप्या आनी 6 कांस्य पदकां सयत वट्ट 24 पदकां मेळोवन भारतान आशियाई एथलेटिक्सांत आपली वाडटी प्रतिश्ठा परत एक फावट सिद्ध केली. उत्कृष्ट कामगिरी करपी गुलवीर सिंग चॅम्पियनशिपाच्या एकाच आवृत्तींत दोन भांगरा पदकां जिखपी पयलो भारतीय जावन इतिहास रचलो. 26 वर्सां पिरायेच्या ह्या आर्मी खेळगड्यान पयल्या दिसा 10 हजार मीटर धावपाच्या सर्तींत जैत मेळयलें आनी उपरांत 5 हजार मीटर सर्तींत वर्चस्व गाजोवन ताची कुशलताय दाखयली

हवामान 30

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या 7 दिसां खातीर ईशान्य भारतांत घोगयानी पावस पडपाचो अदमास काडला. केरळ, माहे आनी कर्नाटकांत बिरेस्तारा मेरेन गडगड, वादळी वारे आनी वीज पडपा वांगडाच व्हड घोगयानी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आणि आता खबरो सोपोवचे परत काय मुखेल खबरो

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो राष्ट्रीय खबरो आयकात सांजेच्या 6.30 मिनिटांचेर नमस्कार